05.08.2025 7.20

ज्या गोंयकारांक जमनिच्यो सनद दिवपाच्यो उरल्यातं तांका मार्च २०२६ मेरेन दिवपाची मोख राज्य सराकरान दवरला.

लोकसभेन आयज गोंय राज्य विधानसभा मतदारसंघांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, 2024 संमत केले

गोंयचे तशेच जम्मू आणि काश्मीरचे आदले राज्यपाल सत्यपाल मलिक आयज संवसाराक अंतरले

भौशीक वा खासगी वाठारानि कोयर ऊडयल्यार २ ते ३ लाख रूपया मेरेन दंड घालपाची तजवीज आशिल्ले गोंय कोयर नियंत्रण विधेयक २०२५ जालें

रश्मि 100

रान हक्क कायदयारवी ज्या गोंयकारांक जमनिच्यो सनद दिवपाच्यो उरल्यातं तांका मार्च २०२६ मेरेन दिवपाची मोख राज्य सराकरान दवरला. सध्याक राज्यातल्यान १० हजार नागरीकांनी अशा सनदी खातीर अर्ज केल्ले. हांतुल्लया ३ हजार लोकाक सनदी दिल्यात . जाल्यार सुमार १ हजार जणांचे अर्ज भायर पडल्यात. मार्च २०२६ मेरेन राज्यातल्यो श्य सगळे अर्ज निकालात काडटले अश म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

आदिवासी समजाच्या उदरगतीखातीर **tribal sub plan** वरवी आशिल्लया ६९ कोटी रुपया उपेग सरकारान केल्लो ना, हांका लागुन गरज आसुन लेगीत आदिवासी समाजाच्या उदरगतीची कामा अडकुन उरल्यात असो आरोप आमदार विरेश बोरकार हांणी केला. जाल्यार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ८२ टक्के निधीचो उपेग केला अशे म्हणला.

गोंवा 110

लोकसभेन आयज गोंय राज्य विधानसभा मतदारसंघांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, 2024 संमत केले.अनुसुचीत जमातीच्या सदस्यांच्या प्रभावी लोकशाही सहभागा खातीर सुवातीचे आरक्षण सक्षम करप आनी गोंय राज्य विधानसभेतल्या जाग्यांचें पुनरसमायोजन करपाची तजवीज करप हो विधेयकाचो हेत आसा. ह्या चर्चेक जाप दितना केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें, कि अनुसुचीत जमातींक गोंय विधानसभेंत तांचें प्रतिनिधित्व सुनिश्चीत करपा खातीर आरक्षण दिवपाच्या हेतान हें विधेयक हाडलां. राज्यांतल्या अनुसुचीत जमातींची लोकसंख्या 2001 वर्सा पाचशे सासठ आशिल्ली ती एक लाख एकूण पन्नास हजारां परस चड जाल्या अशें तांणी सांगलें. पयलीं फकत अनुसुचीत जातीं खातीर आरक्षणाची तजवीज आशिल्ली पूण अनुसुचीत जमाती समाजाची लोकसंख्या वाडत गेल्यान राज्य विधानसभेंत अनुसुचीत जमातींक आरक्षण दिवप गरजेचें आसा अशें मेघवाल हांणी सांगलें.

रश्मि 75

गोंय विधानसभेंत अनुसूचीत जमातींक आरक्षण दीवपी ‘गोंय विधानसभा मतदारसंघांत अनुसूचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्व पुनर्वसन येवजण विधेयक, २०२४’ आयज लोकसभेंत भौमतांनी मंजूर जालें. लोकसभेच्या मंजुरी उपरांत राज्यसभेची मंजुरी मेळतकच गोंयांत अनुसूचीत जमातीं खातीर विधानसभा वेंचणुकेंत आरक्षीत जागा निश्चीत करपाक मेळटले.

इतलेमजगती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी हे विधेयक संमंत केल्ले खातीर केंद्र सरकाराचे उपकार आठयल्यात.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला आशील्ले सरकार हे सर्वांगीण उदरगती खातीर काम करता अशे म्हणला.आदीवासी समाजाच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान हे विधेयक महत्वाचे तशेंच इतीहासीक आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

सत्यपाल मलिक 20

गोंयचे तशेच जम्मू आणि काश्मीरचे आदले राज्यपाल सत्यपाल मलिक आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 79 वरसा आशिल्ली.दिल्लीतल्या राम मनोहर लोहिया हॉस्पिटलांत ताणी निमणो श्वास घेतलो.

रश्मि 40

खण वेवसाय चलपी वाठारातल्या लोकांच्या उदरगतीखातीर जिल्हो खण निधीचो उपेग करपाचो आसता, मात तशे जाय ना असो हुस्को मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी उक्तायलो. खण वेवसाय वाठारातल्या लोकांची शेता भाटा पीडयार जातात. ताका लागुन ही अर्थिक मजत मेळप गरजेचे आसा अशे प्रेमेंद्र शेट हांणी म्हनला.

आमदार विजय सरदेसाय हांणी लामगांवातल्या सुमार ७२० शेंतकारांक दोन नामेनेच्या खण कंपन्यांकडल्यान लुकसाण भरपाय दिवपाचे बाकी आसा. सरकारान जाता तितल्या बेगीन हाचेर लक्ष घालचे अशी मागणी केल्या. संबंधित कंपन्याकं सागुन हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करपाचे आस्वासन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिला.

डेस्क 20

मनोहर परिकर विमानतळचेर आशिली चडशी दुकाना बिगर गोयकराची कित्याक असो प्रश्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हानी केलो आणि हे विशी मुखेलमंत्र्याकडे जाप मांगली

गणेश 90

भौशीक वा खासगी वाठारानि कोयर ऊडयल्यार २ ते ३ लाख रूपया मेरेन दंड घालपाची तजवीज आशिल्ले गोंय कोयर नियंत्रण विधेयक २०२५ काल सभाघरात संमत जालें. नाले, तळी, बायों, चिरेखणी हांगा कोयर ऊडोवन ते दुशीत जाल्यार ५० हजार ते १ लाखामेरेन दंड. पयले फावट ५० हजार, दुसरे खेप १ लाख आनी मुखार दर खेपे 3 लाख रूपयांचो दंड जातलो.

व्हडा प्रमाणात प्लास्टीक वा कोयर तयार करपी कंपनी, आस्थापनांनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाकडेन ऑनलायन नोंदणी करप सक्तीचे आसा. नोंदणी केली ना जाल्यार २५ हजार ते १ लाख रूपया मेरेन दंडाची तजवीज आसा.

रश्मि 135

गोंय खादी आनी गृह उदयोग आयोगावतीन पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयात ४- ६ ऑगस्ट ह्या काळात खादी पासत तयार केल्या वेगवेगळ्या कपड्यांचे तशेंच हस्तकला वस्चुचे प्रदर्शन भरला. ह्या प्रदर्शनात राज्यभरातल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा जाल्यार ह्या प्रदर्शनात कुंभार सशक्तीकरणा वरवी शिल्प कामांची प्रात्याक्षिक आगळे वेगळे आकर्शण थारला. ह्या प्रदर्शनात खादी कपडे, सुती कपडे, मातयेपासुन तयार केल्यो वस्तु, तशेंच हेर हस्तकेलेच्यो वस्तु विकपाखातीर उपलब्द आसात.
खादी उत्पादनांक बाजारपेठ मेळची तशेंच नागरीकांनी स्वदेशी वस्तुचो उपेग कर पाक उर्बा दिवपाच्य। हेतान ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन गोंय खादी आनी गृह उदयोग आयोग फाटल्या तीन वर्सासावन करता. हे शिवाय हस्तकला कलाकार तशेंच शिल्पकार, हांका उर्बा दिवपाच्य हेतान ह्या प्रदर्शनाचे आयोजन आयोग करता. इतलेमजगती ह्या प्रदर्शनाक भेट दिवपयांनी प्रदर्शनात आशिल्लयो वस्तु बऱ्यो आनी सवाय मोलात उपलब्ध आसा अशी प्रतिक्रिया दिल्या. जाल्यार प्रदर्शनात वाटो घेतिल्लया कलाकारांनी सराकरान ह्या प्रदर्शनाच्य माध्यमातल्यान तांच्य कलेक माची दिल्याखातीर सराकराचे उपकार आठयल्यात.

सुभाष 90

६ वी ते १२ वी मेरेनच्या विद्यार्थ्याखातीर आशिल्ल्या राष्ट्रीय इन्सपायर-मानक पुरस्कारा खातीरची नामांकना आनी प्रस्ताव बेगोबेग धाडचे अशें गोवा शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेच्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी मागला. खंयचीय शाळा विज्ञान विशयातले ५ प्रस्ताव धांडूक शकता. **www.inspireawards.gov.in** ह्या संकेत थळाचेर हे प्रस्ताव स्विकारपाक १५ जून सावन सुरुवात जाल्या अशें तांणी सांगले. सादर केल्ल्या प्रस्तावांची संकल्पना कल्पक वा मौलिक आसची अशी ह्या संबंधीची मुळावी अट सगळ्या शाळांनी मतींत घेवंची.

सुशांत 100

दरवर्सा ५ ऑगस्टाक राय ह्या गावात पारंपारिक कणसाचे फेस्त आयज व्हडा भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयले. आयज देवाक ओंपिल्ल्या शेतातले पयलें कणस रायच्या अवर लेडी ऑफ **sno**ज इगर्जेच्या मुखेल पाद्रीन कापून देवाक ओंपले आनी उपरांत जमिल्ल्या भाविकांक ही कणसां वाटली.

देवान आमकां पीक दिला त्याखातीर ह्या पिकाचो पयलो मान देवाक फावो जाता हे भावनेन पिकेचे पयले कणस देवाक ओंपतात. राय गावात ही परब शेकड्यांनी वर्सां चालू आसा.

आयज ह्या परबे निमतान गावच्या पाद्रीन शेताचेर देवाचे बेसांव घाले आनी उपरांत इगर्जेतल्या रुप्याच्या विळ्यान शेतातले कणस कापले. त्या उपरांत ह्या कणसाची मिरवणूक काडली. उपरांत ह्या वर्सा फळादीक आनी समृध्द कापणी हंगामा खातीर प्रार्थना केली.

स्पोर्ट्स 20

तिसवाडी तालुका बुद्धिबळ संघटनेची श्रीपाद आणि अनुसूया कामत तारकार यादस्तिक राज्य पवड्यावेळी बायला बुद्धिबळ सरत निवड चाचणी 8 ते 10 ऑगस्ट मजगती कुजिरा बामबोली जातली

**IMD** 35

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडलया काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला